<u>आकाशवाणी पणजी</u>

<u>केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा</u>

मुखेल खबरो

- धनगर समाजाक, आदिवासी समाजात आसपावन घेवचे, तशेच भंडारी समाजाक ओबीसीत, कोटा विथिन कोटा दिवचो, अशी मागणी आमदार विजय सरदेसाय हांणी विधानसभेत केली.
- गोंयात जावपी 90% गुन्हे करपा फाटल्यान, बिगर गोंयकारांचो हात आसा, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले. नागरीकांनी mobile banking, cyber crime वीशी सादुर रावचे, अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यानी केला.
- चवथीच्या परबेवेळार नाल्लाचो उणाव जावचो न्हय म्हण, गोंय फलोत्पादन म्हामंडळान no profit no loss प्रमाण, नाल उपलब्ध करून दीवपाचे थारायला.
- वेंचणुक प्रक्रिया घटमूट करपा खातीर, मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला, उंचेल्या पांवड्यावेलें शिश्टमंडळ फाल्या गोंयांत येतलें.

Dhangar ST Reservation CM/Vijai – 100

धनगर समाजाक आदिवासी समाजात आसपावन घेवचे, तशेच भंडारी समाजाक ओबीसीत, कोटा विथिन कोटा दिवचो, अशी मागणी आमदार विजय सरदेसाय हांणी आयज, शुन्य वराक केली. आदिवासी समाजाचो राजकीय राखीवतेचो प्रस्न सुटावो जाला. मात, ह्या राखीवतेत धनगार समाजाक आसपावन घेवपाची गरज आसा, अशे सरदेसाय हांणी म्हळे. तांच्या ह्या मगणेक जाप दितना, मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी, धनगर समाजाक आदिवासी समाजाच्या वळेरेत आसपावन घेवपाचे काम सुरु आसा, अशे सांगले. तशेच ओबीसीचे प्रस्न सुटावे करपाक, मागास वर्गीय आयोगाकडेन प्रक्रिया सुरु जाल्या, अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी दिली.

राज्यात खुन करपाचे गुन्याव, बायलांचेर तशेंच भुरग्यावीशी गुन्याव, अपहरण, बलात्कार, सायबर क्रायम, घुवळी वखदांच्या वेव्हारात वाड जाल्या. तशेच पैशांची फसवणुक, जुगार सारखे गुन्याव लेगीत वाडल्यात. देखुन, हे फांटभुयेर गोंयचो कायदो आनी सुवेवस्था पेड्यार जाल्या, असो आरोप करीत, हो प्रस्न सुटावो करपाक गृह खाते, कशा पद्धतीन काम करता, असो प्रस्न आमदार विरेश बोरकार हांणी मुखेलमंत्री तशेंच गृहमंत्री प्रमोद सावंत हांका, प्रस्न आनी

जापेच्या वराक केलो. गोंयात जावपी 90% गुन्हे करपा फाटल्यान, बिगर गोंयकारांचो हात आसा. चोरी, घरफोडी, बलात्काराच्या गुन्ह्यावांनी बिगर गोंयकारांचो चड आसपाव आसा, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी, बोरकार हांच्या प्रस्नाक जाप दितना सांगले. अशा गुन्यावकारांक अटक करून, तांचेर कारवाय केला, काय जाणाचेर कारवाय सूरू आसा. गुन्ह्याव करप्याचेर गृह खाते कडक कारवाय करता, अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगले. तशेच नागरीकांनी mobile banking, cyber crime वीशी सादुर रावचे, अशेय आवाहन मुखेलमंत्र्यानी केला.

Lobo on SOTTO - 100

State Organ and Tissue Transplant संघटना (सोटो) ही भलायकि मळावेली, एक महत्वाची संघटना आसा. दान केल्ले अवयव एखाद्या गरजु दुयेतीक, वेळात उपलब्ध करुन दिवन, ताचो जीव वाचोवपाचे काम, ही संघटना करता. हे विंशी राज्यात जागृताय करपाची गरज आसा, अशे आमदार मायकल लोबो हांणी शुन्य वराक, सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिला. सोटोविंशी जागृताय करपाखातीर मोहन फांऊडेशन म्हण एक आस्थापन, सरकाराक मजत करुंक शकता. हे विंशी सरकारान विचार करचो, अशी मागणी मायकल लोबो हांणी केली.

CM on Economic Growth – 60

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी, देशाच्या आर्थिक विकासाखातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका परबी भेटयलां. जागतीक आव्हानां आनी संकटांच्या काळांत लेगीत योग्य धोरणां, आर्थिक सुधारणा, थेट परकी गूंतवणूक आनी सर्वसमावेशक निर्णयांखातीर, देशान ७ पूज्य ८ टक्के इतकी आर्थिक वाड साध्य केल्या, अशेंय मुख्यमंत्र्यांनी मुखार सांगलें.

Coconut Premendra Shet – 100

चवथीच्या परबेवेळार नारळाचो उणाव जावचो न्हय म्हण, गोंय फलोत्पादन म्हामंडळान no profit no loss प्रमाण, राज्यात नाल उपलब्ध करून दीवपाचे थारायला, अशी म्हायती गोंय फलोत्पादन म्हामंडळाचे अध्यक्ष प्रेमेंद्र शेट हांणी दील्या. सध्या बाजारात 35 रुपया पासून ते 70 रूपयाक एक हे प्रमाण, नाल विकतात. जाल्यार श्रावणान पुजेक लागपी सोण्णासकट एक नाल, 100 ते 120 रूपया ह्या प्रमाण, बाजारात विकतो मेळटा. पोरू ह्याच काळात, गोंय

फलोत्पादन म्हामंडळान शिमोगा कर्नाटकातल्यान 50 हजार नाल आयात केल्ले. हे नाल गोय फलोत्पादन म्हामंडळाच्या 1 हजार 250 केंद्रांचेर, सवलतीच्या मोलात उपलब्ध आसतले. भाजयो विकपी मोबायल व्हॅनचेर लेगीत, नाल वीकते मेळटले.

Shripad Naik Flyover – 50

गोंयांत येरादारीत, वराच्या वरा रावचे पडपी लोकांक, पर्वरेच्या नव्या फ्लायओव्हराक लागून व्हड मजत जातली, अशें केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हांणी म्हळें.

ईसीआय Conference – 100

तळागाळांत वेंचणुक प्रक्रिया घटमूट करपा खातीर, फाल्या 2 आनी 3 सप्टेंबराक, मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला, उंचेल्या पांवड्यावेलें शिश्टमंडळ गोंयांत येतलें. मडगाव रवींद्र भवनांत जावपी ह्या दोन दिसांच्या प्रादेशिक कार्यावळींत, वेंचणूक प्रक्रिया चड सोपी, प्रभावी आनी पारदर्शक करपा खातीर, 2 सप्टेंबराक बूथ पावड्यावेल्या अधिकाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. जाल्यार, 3 सप्टेंबराक वेंचणूक साक्षरता क्लब आनी ईसीआय हांचे विशीं ह्या परिशदेत मतदार जागृताय आनी डिजिटल उपक्रमांचेर तरणाटे आनी भागधारकांकडेन चर्चा करतले. परिशदे वांगडाच, आयोगाचे मुखेल उपक्रम, नवनिर्माण, आनी कृती दाखोवपी खाशेलें प्रदर्शन लेगीत, घडोवन हाडटले. ह्या शिश्टमंडळांत वरिश्ठ उप-वेंचणूक आयुक्त पवन शर्मा आनी आयोगाच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांचो आस्पाव आसा.

मसणदेवी जत्रा Rajesh - 50

दिवचल म्हालातल्या नार्वे हांगाची, नामनेची श्री मसण देवीची जत्रा, आयज व्हडा उमेदीन धार्मिक आनी सांस्कृतिक कार्यवळीनी मनयली. हे निमतान, सकाळसावन नार्वे हांगाच्या देवीच्या मंदिरात, भाविकांनी दर्शन घेतले. मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हाणीं आपली घरकानी सयत देवीचे दर्शन घेतले. गोंयातल्या या वैशिष्ट्यपूर्ण जात्रेच्या निमत्तान नार्वे हांगा खासा फेरी भरता.

हवामान – 50

गोंयभर चडशा वाठारांनी, मध्यम ते हलको प्रमाणात पावस पडला. दाबोळे, केपे वाठारांत मध्यम जाल्यार म्हापशा, फोण्या वाठारांत कमी प्रमाणात पावसाची नोंद जाल्या. वेधशाळेvn

दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, पणजीत चडान चड तापमान ३२ अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान २६ अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला. हेर कसली शिटकावणी, वेधशाळेन दिवंक ना.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- धनगर समाजाक, आदिवासी समाजात आसपावन घेवचे, तशेच भंडारी समाजाक ओबीसीत, कोटा विथिन कोटा दिवचो, अशी मागणी आमदार विजय सरदेसाय हांणी विधानसभेत केली.
- गोंयात जावपी 90% गुन्हे करपा फाटल्यान, बिगर गोंयकारांचो हात आसा, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले. नागरीकांनी mobile banking, cyber crime वीशी सादुर रावचे, अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यानी केला.

- चवथीच्या परबेवेळार नाल्लाचो उणाव जावचो न्हय म्हण, गोंय फलोत्पादन म्हामंडळान no profit no loss प्रमाण, नाल उपलब्ध करून दीवपाचे थारायला.

- वेंचणुक प्रक्रिया घटमूट करपा खातीर, मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला, उंचेल्या पांवड्यावेलें शिश्टमंडळ फाल्या गोंयांत येतलें.

इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, फाल्या सकाळी ७ वरा जावन २५ मिनटांचेर. नमस्कार!